**भलायकी मंत्र्याहस्तुकीं कोवीड झुजाऱ्यांचो भोवमान**

ता. 19 ऑगस्ट 2021

भलायकीमंत्री श्री. विश्वजीत राणे हांचे हस्तुकीं काल चिंबलाच्या मुळाव्या भलायकी केंद्रातल्या कोवीड फ्रंटलायन झुजाऱ्यांचो सत्कार जालो.

आमदार श्री. आंतोनियो टॉनी फर्नांडिस, भलायकी सेवा संचालक डॉ. जुजे डिसा, डॉ. राजेंद्र बोरकार, रॉटरी कल्ब पणजी रिव्हेराचे अध्यक्ष एड. अमित पालेकर आनी भलायकी अधिकारी डॉ. ज्युड डिसौझा ह्या वेळार हजर आशिल्ले.

कोरोना संक्रमणाच्या पयल्या आनी दुसऱ्या ल्हाराच्या काळांत भलायकी कर्मचाऱ्यांनी केल्ल्या कामाची तोखणाय करून भलायकी मंत्र्यान कोरोना दुयेंतीची योग्य काळजी घेवपाक आनी उपचार करपाक म्हत्वाची भुमीका निभायली, तशेंच चडांत चड लोकांक वासीन दिवपाचे बरे काम केले, अशें म्हणलें.

आमदार श्री. आंतोनियो टॉनी फर्नांडिस, भलायकी सेवा संचालक डॉ. जुजे डिसा, डॉ. राजेंद्र बोरकार हांणीय भलायकी कर्मचाऱ्यांच्या सेवेची तुस्त केली.

ह्या वेळार भलायकी कर्मचाऱ्यांक प्रशस्तीपत्रां भेटयली.

म्हा /सप/ ऑप / विगां/ 2021/707

--

Issued by Department of Information & Publicity

Department of Information & Publicity
3rd Floor, Udyog Bhavan,
Near Azad Maidan, Panaji